**राष्ट्रीय कायदो शाळेच्या शिश्टमंडळाची मुख्यमंत्र्या वांगडा बसका**

ता. 6 नोव्हेंबर 2020

बंगळुरच्या भारतीय विद्यापिठाच्या राष्ट्रीय कायदो शाळेच्या शिश्टमंडळान आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन गोंयांत भारत आंतरराष्ट्रीय कायदो शिक्षण आनी संशोधन विद्यापीठ प्रकल्प स्थापन कारपा बाबतीत चर्चा केली. विद्यापीठ प्रकल्पात कायदो अभ्यासक्रम, कायदो अकादमी, न्यायिक अकादमी प्रशिक्षण आनी शिक्षणाची सुविधा आसतली, अशी म्हायती शिश्टमंडळान दिली.

जर हो प्रकल्प गोंयांत स्थापन जालो जाल्यार गोंयांक ताचो कित्ये फायदो जातलो हे विशीं शिश्टमंडळान मुख्यमंत्र्याक पटोवन दिले. गोंय हे शिक्षणिक हब जावपाक ह्या प्रकल्पाचे योगदान मेळटले. राज्यांत आंतरराष्ट्रीय कायदो आस्थापनां स्थापन जावन सेवा मळार सुदारणा जावपाक मदत जातली. राज्यांत कायदो धोरण संशोधन आनी कंसल्टन्सी सेवा उपलब्ध जातली. तशेंच आंतरराष्ट्रीय विद्यार्थी, वकील आनी न्यायाधिशांच्या राबीत्याक लागून पर्यटनाक वाव मेळटलो.

मुख्यमंत्र्यान शिश्टमंडळाक सरकार प्रकल्पाच्या प्रस्तावाचेर अभ्यास करतले म्हणपाचे उतर दिले.

एडव्होकेट जनरल देविदास पांगम, मुख्यमंत्र्यांचे सचीव जे. अशोक कुमार, श्री. विवेक एच. पी. हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/660

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji